Jaag Monthly, Reg. No. GOAKON/2002/08648. SEPTEMBER 2025 Published on 1st and Posted on 1st to 7th day of every month

# जाग

वर्स ५१ : आंक २ : सप्टेंबर २०२५



जाग प्रकाशनाचें

# जाग

म्हयनाळें

**वर्स ५२ : आंक २ : सप्टेंबर २०२५**

● **संस्थापक संपादपी :**
स. रवीन्द्र केळेकार
स. सुमंत केळेकार

● **वैचारीक दायज :**
स. माधवी सरदेसाय

● **संपादपी :**
आसावरी नायक

● **मुखेल पालवी संपादपी :**
सखाराम शेणवी बोरकार

● **पालवी संपादपी :**
कृपाली नायक, एडना वाझ

● **उजवाडावपी :**
वैकुंठ पै फोंडेकार
२०१-बी, सालदॅल अपार्टमॅन्टस्
रुअ द साउदादिश, पाजीफोंड,
मडगांव - गोंय ४०३ ६०१.

● **छापपी :**
इलिगंट ऑफसेट प्रिंटर्स,
थिवी इंडस्ट्रियल इस्टेट, थिवी-म्हापशें, गोंय.


● **वेव्हाराचो नामो :**
जाग म्हयनाळें
२०१-बी, सालदॅल अपार्टमॅन्टस्
रुअ द साउदादिश, पाजीफोंड,
मडगांव - गोंय ४०३ ६०१.
फोन: ७४४७२६८७२० । ९७६५१८७६०६

| | |
|---|---|
| वर्सुकी पटी | : ४००/- रु. |
| विद्यार्थ्यां खातीर (फकत वर्सुकी) | : २००/- रु. |
| तीन वर्सांची पटी | : १,०००/- रु. |
| वाचप-घरां खातीर वर्सुकी पटी | : ५००/- रु. |
| जिवीत भराची वांगडी-पटी | : ४,०००/- रु. |

**Jaag Bank Details:**
Account No. 4004002100005165
Name : JAAG MONTHLY
Bank Name: Punjab National Bank
Branch : Panaji-Goa
IFSC Code: PUNB0292300

किरकोळ आंकाचें मोल : रु. ४०/-

**ह्या अंकांत उक्तायिल्ले विचार त्या त्या बरोवप्यांचे आसात. संपादक मंडळ तांचेकडेन सहमत आसतत्र अशें ना.**




## मांडावळ...

०२ **संपादकीय**........................................

०२ **नवें शिक्षण धोरण आनी कोंकणी** ........................................
........................................नारायण देसाय

०४ **म्हजो रवीन्द्र सांगात** ........................................
........................................दिलीप बोरकार

०७ **जयंती नायकांच्या वेंचीक कथांतली उपेक्षीत अस्तुरी: एक चर्चा** ........................................
........................................डॉ. रमा मुरकुंडे/प्रतिमा गांवकार

११ **एका पसरकाराचें आत्मचरित्र** ........................................
........................................ दत्ता दामोदर नायक

१३ **इश्टांची गत** ........................................
........................................ दादा हेगडे

१४ **आवयपण** ........................................
........................................ रेश्मा अमित खोलकार

१६ **चलो: एक अनामीक मुसाफीर** (मातयेंतली मनशां) ........................................
........................................ डॉ. जयंती नायक

१८ **डिप्रेशन बळी!** (कथा) ........................................
........................................ आशा शानभाग

२० **घर बघलां बानून...** (पेडणेच्या कोंकणी शैलींतली कथा) ........................................
........................................ डॉ. मिलिंद म्हामल

२४ **रांक** ........................................
........................................ कृ. म. सुखठणकार

२९ **गिरेस्त जावपाची 'जतनाय'** (पुस्तक परीक्षण) ........................................
........................................ शुभा सि. बरड वेलिंगकार

३१ **पडसाद** ........................................
........................................ रमेश वेळुस्कार

३२ **कविता:** ........................................
........................................ रुपा कोसंबे, सौ. विजया नवीन शेळडेकार, उल्हास पै रायकार.

**भायलें चित्र** : निरुपा नायक.


**भितल्लीं चित्रां :** भरत जगताप, निशीत बोरकार.

# जयंती नायकांच्या वेंचीक कथांतली उपेक्षीत अस्तुरीः एक चर्चा

**डॉ. रमा मुरकुंडे / प्रतिमा गांवकार**


**प्रपत्र**





**सारांशः** समाजांतल्या उंच-उणाक वस्तुस्थितीची जाणीव एका संवेदनशील लेखकाक जाता तेन्ना ताचेर आपले परीन तो उजवाड घालता. समाजांत आशिल्ली विशमता फक्त वयलेचाराक मांडनासतना खोलायेन वचपाची तयारी, संवेदनशीलताय आनी चिकाटी कांय लेखक दाखयतात. कोंकणी कथांचो विचार केल्यार जयंती नायक हांणी हो यत्न केल्लो दिसता. समाजांतल्या तळागाळांतल्या लोकांच्यो व्यथा त्यो आपल्या साहित्या मार्फत आनीक खरसाणीन मुखार हाडटात. ह्या तळागाळांतल्या लोकांचो एक म्हत्वाचो भाग म्हणल्यार अस्तुरी. अस्तुरेक समाजांत जी उपेक्षीत वागणूक मेळटा, ती कशी, ती वागणूक दिवपी कोण, ताचो प्रतिकार शक्य आसा व्हय? अशा साबार प्रस्नांच्यो जापो ह्या प्रपत्रा वरवीं अभ्यासपाचो हांगा यत्न केला.

**विशय केंद्रीत उतरां :** अस्तुरी, उपेक्षीत, जयंती नायक, कोंकणी कथा, समाज.




**सुरवात**

कोंकणी साहित्यांत अस्तुरे विशींचे प्रस्न, तिचीं सुख-दुख्खां, तिचीं सपनां हांचें चित्रण आयलां. दादले तशेंच बायल लेखकांनी तिका, तिच्या समस्यांक वाचा फोडपाचो यत्न केला. कांय वेळार हे यत्न उखलापे जाल्यार कांय वेळार त्या यत्नांनी मर्माचेर बोट दवरलां. अस्तुरी म्हणल्यार फक्त वस्त वा भोगवस्त नासून तिचे कडेन मनीस म्हणून पळोवपाची नदरूय कोंकणी लेखकांनी दिल्या. 'अनन्य' ह्या साहित्य पत्रिकेच्या 'मंथन' सदरात 'कोंकणी साहित्यांत अस्तुरेची प्रतिमा' ह्या लेखांत हेमा नायक म्हणटात, ''कोंकणी साहित्यांत बायलांचे विशय पोटतिडकीन येवपाक लागले ते १९७०च्या उपरान्त. तो मेरेन बायल ही साहित्यांत एक तर भावनाशील व्यक्ती वा तिका एक मनोरंजनाची व्यक्ती म्हण मानताले आनी ते प्रमाण लेखन जातालें.'' (हेमा नायक, १८०) हें विधान कांय आडवाद सोडले जाल्यार पट्टा.

समाजांत आनी संवसारांत पुरायपणान सगळें समा अशें केन्नाच नाशिल्ले आनी अश्या 'युटोपियन' समाजाची अपेक्षाय दवरप कितपत योग्य आसा? अशें आसलें तरी समाजांतली विशमताय उणी करप, तशें प्रबोधन करप, यत्न करप सदांच हिताचें थारता. साहित्य हो समाजाचो हारसो. आपलें बरें सोबीत-कुरूप रूप समाज तांतूत पळयता. बरोवपी साहित्या मार्फत केन्ना प्रबोधन, केन्ना फुडाराचें चित्र जाल्यार केन्ना वर्तमान वस्तुस्थिती समाजा मुखार मांडटा.

कोंकणी कथांच्या संदर्भांत वयर मांडिल्ल्या दृश्टीकोनांतल्यान विचार केल्यार दामोदर मावजो, मीना काकोडकार, पुंडलीक नायक, हेमा नायक, माया खरंगटे, महाबळेश्वर सैल, जयंती नायक आनी हेर लेखकांनी हो फळादीक यत्न केल्लो स्पश्ट आसा. जयंती नायक ह्यो अशो लेखिका जांणी मुखेलतायेन तळागाळांतल्या लोकांच्या तशेंच अस्तुरेच्या प्रस्नांक आपल्या लेखनांत सदांच सुवात दिल्या. तांच्या कथांच्या संदर्भांत हेमा नायक (वयलोच संदर्भ) म्हणटात, ''हेमा नायक आनी जयंती नायक हांच्या कथांतलीं बायल पात्रां हीं अन्यायाआड बंड करून उठपी आनी समाजांतल्या बंदनांतल्यान मुक्त जावपी.'' - (हेमा नायक, १८३)

जयंती नायक ह्यो मुखेलतायेन लोकवेद संशोधिका, तेच बरोबर उत्तम कथाकार. तांणी बालसाहित्य, नाटक, एकांकी तशेंच अणकार हें साहित्य प्रकार व्हडा कुशळतायेन हाताळ्ळ्यात. एक अश्टांगी साहित्यीक म्हूण त्यो प्रेरणादायक थारतात. तांच्या कथांनी तळागाळांतलो समाज दिसता. तांचे प्रस्न, उत्फर्के त्यो मांडटात. तांच्या कथांनी अस्तुरेची विंगड विंगड रूपां दिसतात. ह्या प्रपत्रा वरवीं जयंती नायक हांणी उपेक्षीत अस्तुरेक कितलो न्याय दिला, तिका कितलें प्रतिनिधित्व दिलां ते अभ्यासपाचो हेतू आसा.

**सिद्धांतीक बसकाः**

उपेक्षा/उपेक्षीत उतराचो अर्थ संस्कृत, हिंदी आनी कोंकणी भाशेंतल्या वेगवेगळ्या शब्दकोशांनी सकयल दिल्ले प्रमाण असो आसाः

**१. द स्टुडन्ट्स संस्कृत- इंग्लीश डिक्शनरी**

उपेक्षा-Overlooking, disregard, neglect (आपटे,१३५)

**२. वर्धा हिंदी शब्दकोश**

उपेक्षा- १ किसी की इस प्रकार अवहेलना करना की वह अपमानजनक प्रतीत हो; तिरस्कार; अनादर. (सक्सेना)

उपेक्षित- १. उपेक्षा का शिकारी २. जिसका समुचित आदर सम्मान न किया गया हो। (सक्सेना)

**३. साहनी  हिंदी शब्दकोष**

उपेक्षा- अवहेलना, अपमान, नजर अंदाज, लापरवाही (साहनी, ५९)

**४. कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश**

उपेक्षा- उवेखणी, हेळसांड, तिरस्कार, नसाय, दुस्वास,तिटकारो, अनादर, अपमान (घाणेकार, २०१)

उपेक्षीत- अनादर केल्लें, अवमानिल्लें, उवेखिल्लें, दुर्लक्षीत, पडकार (घाणेकार, २०१)

वयल्या अर्थांचो एकंदरीत विचार केल्यार उणाक लेखिल्ली, जमेक घेवपा सारखी न्हय, मान नाशिल्ली म्हणल्यार उपेक्षीत असो अर्थ मेळटा. अर्थीक स्थिती, समाजीक मान, जात, रंग, लिंग आनी शिक्षण हीं समाजांत दुसऱ्याक उणाक लेखपाची कांय सर्वसामान्य कारणां दोळ्या मुखार येतात. समाजांत, भारतीय जावं पाश्चात्य, अस्तुरेक उणाकपणाची वागणूक चडशे वेळार मेळिल्ली पळोवपाक मेळटा. पूण ही वागणूक अस्तुरीच म्हूण उपेक्षीत आसा कांय आनीकूय कारणां लिपल्यात हो विचार जावप गरजेचे. उपेक्षीत वागणूक दिवपाच्या पुराय प्रकियेंत एक व्यक्ती, समाज वा विचार- लादपी वा छळ करपी आसता जाल्यार दुसरे वटेन जाचेर हीं बंधना घाल्यात, उणाक लेखला अशी व्यक्ती वा समाज आसता. 'उपेक्षीत' हें उतर सोशीक मनशाक उल्लेखून आयला. एकाद्री व्यक्ती आपले विचार मांडपाचे हक्क वगडावन बसता ताका 'उपेक्षीत' म्हणतात.

**चर्चा- जयंती नायक हांच्या वेंचीक कथांतली उपेक्षीत अस्तुरी**

जयंती नायक हांचे चार कथा संग्रह- 'गर्जन' (१९८९), 'अथांग' (२००२) आनी 'आर्त' (२०१९) आनी 'तिची काणी' (२०२०) हांतूतल्या वेंचीक कथांच्यो देखी हांगा दिल्यात.

**निमणे बंड**

समाजांतल्या लिंग भेद आनी अस्तुरेक उपेक्षीत स्थान हे दोनूय मुद्द्याची देख 'निमणे बंड' हे कथेंत सगुणें आनी रुपो ह्या घोव-बायलेच्या नात्यांतल्यान दिश्टी पडटा.

रूपो रूपान रुपेस्त पूण चरित्रान सदळ. बायल आनी बाटली ह्या वागण्याक लागून ताचें लग्न थारनाशिल्लें. पूण रूपान फाटीं अश्या सगुण्याचें लग्न सुंदर दादल्या कडेन जाता आनी आपूण धुवेच्या जबाबदारींतल्यान मुक्त जाता म्हूण सगुण्याचें आवय-बापूय ताचें लग्न रूप्या कडेन लायतात.

*"लग्न जायना म्हूण आवय- बापायचे गोमटेक लागिल्लें. रूप्याचें सामकें उरफाटें. मोटवें, हाडकुटें, रंगान काळें, हड्ड्याचे चामडेक चिमटी भरूय मांस नाशिल्लें. सगुण्याची आवय-बापूय असले कुरूप धुवेक इतलो रूपेस्त घोव मेळटा म्हूण  भुल्लूसलीं."* (गर्जन, पान नं ४).

कुरूप आशिल्ल्या कारणान ताका कसलोय आनी कितलो चरित्रहिन दादलो लग्ना खातीर चलता अशें समाजान गृहीत धरलां. फक्त दादलो जालो की जालें अशी मानसीकता आशिल्ल्या आवय- बापायची वागणूक पळोवंक मेळटा. हांगा सगुण्याच्या जाग्यार चलो कुरूप आशिल्लो जाल्यार एक चरित्रहीन चलयेची सोयरीक त्या चल्या खातीर आवय-बापूय स्विकारता आशिल्ली काय असो प्रस्न पडटा.

*"बायलो तर सगुणे नदरेक पडटा काय म्हूण वाट पळयतालीं, ताच्या घाव्यार मीठ चोळूंक! त्यो ताका मुद्दाम हाजेर ताजेर घालून थोमणे मारताल्यो. तें बायल न्हय, ताका कितें तरी दोश आसा, अशें कित्याचें कितें घडोवन ताच्याच तोंडार ताका पाडटालीं."* (गर्जन, ०५.)

हांगा लेखिका सगुण्याक थोमणे मारपी बायलांकूय आरोप्याच्या पांदऱ्यांत उबी करता. स्वता अस्तुरी आसून दुसरे अस्तुरेक घालून-पाडून उलोवपाच्या समाजांत चलतल्या ह्या मानसीक छळाचेर ती नेमकें बोट दवरता. पुरूशप्रधान मानसीकतायेचो स्वताक त्रास जाता, आपल्याचेर अन्याय जाता म्हण बोवाळ घालपी बायलांक तेच विचारसरणेची ढाल करून दुसऱ्या बायलांचे जिवीत नरका परस पाश्ट करतना संवेदना, काकूट, मनीसपण हीं उतरां, ह्यो संकल्पना कित्याक याद जायनात असो प्रस्न पडटा.

लग्ना उपरान्त घोवाच्या नाचरेपणाक लागून सगुण्याक आवयपणाचें सूख मेळना. शेवटाक तो परतो ताचेच कडेन येवन भायर पडटा त्या वेळार सगळो समाज सवायशिणेचो शिंगार पुसून उडोवंक फुडें सरता.

कपलाचो कुकूम पुसूक शाणूमाम फुडें सरता त्या वेळार सगुणें निमणें कडेन बंड करता आनी म्हणटा,

*"ना! शाणूमाम ना! म्हाजें.. कपलाचें पुसपाचो कोणाकच अधिकार. ना! खूप सोंसलें हायें! सवायशीण आसोन बुसोन आंकवार जीण जगलें... आतां सवायशिणिच्यो पिड्डुको घोवाच्या मड्यार उडयल्यो. आयच्यान हांव आंकवार जालें... आंकवार....!"* (गर्जन, पान नं ७.)

कथेच्या शेवटाक सगुण्यान बंड केलां खरें पूण ताच्या ह्या वागणूकेक कितल्या लोकांची मान्यताय मेळ्ळी आसतली काय? घोव भायर पडले उपरांत लेगीत तिका आपल्या मनाची जिण जगूंक फावो ती मेकळीक मेळ्या आसतली काय?

**आसाडी**

'आसाडी' हें कथेंत घन्नी गांवच्या वेळपाची बायल. गांवात तिका खूब मान. घन्नी आनी वेळीपबाब लग्न जाल्यार साठ वर्सा जाल्लीं पूण तिच्या पदरांत भुरगें नासलें. आपल्या देरांच्या भुरग्यांकच आपलीं भुरगीं म्हणून मानपी ते अस्तुरेक आपणे भुरग्याक जल्माक घालें ना हें केन्नाच तकलेंत येवंक ना. पूण आसाडेच्या दिसाक विठ्ठल तिका तिच्या वांझपणाची जाणीव करून दिता.

*"भुरग्यांची चिंता तुका कितें कळटली गे बो! ते खातीर आपल्या पोटांत पिकचें पडटा".* (अथांग, पान नं १४).

बायलेक ह्या समाजांत मान मेळटलो जाल्यार ती सगळ्या आयामांनी पारंगत आसूंक जाय ही अपेक्षा. भुरग्याचें सूख सोडलें जाल्यार घन्नी हेर सगळ्या बाजूंनी सर्वगूण संप्पन अशी बायल. पूण हे कथेंत तिका उपेक्षीत लेखपाचें एक कूस विठ्ठलाक पुरो जाता. विठ्ठलाच्या उलोवण्यांतल्यान एकंदर सामजाची मानसीकता लेखिका हांगा सांगपाचो प्रयत्न करता.

भुरगें नाशिल्ली घन्नी विठ्ठलाचे उतरांतल्यान भर चौकेर उपेक्षीत थारता. विठ्ठल तिचो अपमान करता आनी पदरांत भुरग्याचें सुख नाशिल्ल्या कारणान घन्नी मुकाट्यानी ह्या अपमानाचो घोंट जिरयता.

**शारदम्मा**

'शारदम्मा' ही कथा पुरूश प्रधान समाजांत बायलांचें जावपी खच्चीकरणांचेर एक अस्तुरी कशी खंबीरपणान मात करूंक शकता हाचें उदाहरण दिता. शारदम्माचें बीएचें शिक्षण जाताच ती तयार नासतना तिचो भाव, तिचो अण्णा तिचें लग्न थारायता. लग्नाच्या एका म्हयन्या भितर तिचो घोव भायर पडटा.

*''दुर्दैवान लग्न जावन एकूच म्हयन्यां मदीं शारदम्माचो घोव मेलो आनी परत्या पांयांची म्हण घोवाल्या बाराव्याच्या दिसा तिका देरांनी हाडून कुळारा पायली.''* (अथांग, पान नं ३०)

समाजांत जर एक घोव उरून बायल मेल्ली जाल्यार ताका कोणूय विदूर म्हण उपेक्षीत वागोवपाचो, अमंगळ समजपाचो काय म्हयन्या भितर ताचे दुसरें लग्न जावपाचें? जशें 'गर्जन' कथा संग्रहांत 'गाराणें' कथेंत गुण्याच्या बापायन बापायच्या वयाचो आशिल्ल्या उपाशा कडेन धाकूटपणान लग्न जाता तशें जावपाचें?

शारदा परतून शिकूंक सोदता तेन्ना अण्णा घराण्याची अब्रू तिणें पावणेर काडली म्हण तिच्या फुडारा कडल्यान तिका फाटीं ओडपाचो यत्न करता.

*''शारदा तुका कितें फाल्त आसा, म्हण तूं घराण्याचें नांव पिड्ड्यार करूंक भायर सरलां?''*

*''आजमेरेन आमच्या घराण्यांतले खंयचेय विधवेन घराच्या हुमऱ्यार पांय दिलो ना, थंय तूं युनीव्हर्सीटींत वचून शिकतलें? नोकरी करतलें?''* (अथांग, २९).

विधवा जावप म्हणजे मुखार शिक्षणाचोय मार्ग बंद, अस्तुरी म्हूण शिक्षणाचो मार्ग बंद देखून जोडीचो मार्ग बंद. जोडना म्हणटकूच समाज उपेक्षीत वागोवपाक मेकळो. त्याच जाग्यार दादलो आसल्यार विधूर म्हण कोण ताचें शिक्षण वा जोड बंद करचो ना.

शारदाम्मा मात ह्या संगळ्या बंधनांक जुगारून व्हडा कश्टान आत्मनिर्भर जाता, मानसम्मान, प्रतिश्टा जोडटा. भाव तिचे कडले संबंद तोडटा, नातें तोडटा- ही व्हड किंमत शारदम्मा चुकयता.

शारदाम्माची धुवडी, अण्णाची धूव- पांच वर्सां मेरेन तिका भुरगें नाशिल्ल्यान तिचो जाल्लो छळ कितें कमी म्हूण घरकार भायर पडटा तेन्ना मंजुळा जीव दिवपाचो यत्न करता. शेवटी तिका बापूय शारदाम्मा कडेन हाडटा. हांगा परतून मंजुळाकूय आवयपण मेळूंक ना आनी विधवा जाल्या म्हूण हीन वागणूक मेळटा.

शारदाम्मा हे कथेंत सुरवेक आनीक एक मुद्दो येता तो म्हणल्यार तिच्या चरित्रा संबंदांत आशिल्ल्या अफवांचो. तिच्या घरा मुखार घर बांदिल्लो रामण्णा तिका आपल्या जाळ्यांत घुस्पावपाचो निर्फळ यत्न करता. दाळ शिजना तेन्ना तिचे नागार्जून ह्या तिच्या विद्यार्थ्या कडेन अनैतीक संबंद आसा अश्यो वावड्यो उठयता. असल्या परिस्थितींनी समाज अस्तुरेक बऱ्या पैकीं दुय्यम स्थान दितना दिसता. दादले मनशान बायल-भुरगीं आसतनाय अनैतीक संबंद दवरल्यार एक तर समाज आडनदर करता वा तशें वागणें दादल्याक परवडटा अशें म्हूण आपले हात धुवन मेकळो जाता. अस्तुरी आसल्यार तिची सादी, निरागस इश्टागत सुद्धा समाजाक मान्य जायना.

अस्तुरेक वेगवेगळ्या पांवड्यार उपेक्षीत लेखपी समाज दर्शन हे कथेंत जाता.

**उमा**

हे कथेंत उमा ही विद्यापिठांत शिकपी विद्याची इश्टीण. भावाचो मेवणो आपल्या आदले बायलेक मारून उडोवन पयशांच्या नाड्यार कोर्टांतल्यान सुट्टा. उमाक ताचो तिरस्कार आसता. शक्य आसल्यार आपूण ताका बंदखणींत घालता आसलें अशे विचार मनांत किल्लोवपी उमा शेवटाक त्याच दादल्या कडेन लग्न जाता. घोवाच्या आदल्या बायलेचो भुरगो, उमाची स्वताचीं भुरगीं आनी घर हांच्या भोंवतणी ताणें स्वताक व्यस्त करून घेतिल्लें आसा.

*''म्हाका सदांच सुटी! हांव खंय नोकरी करतां? ...हांकां बायलांनी नोकरी करप मान्य ना!''* (आर्त, ४४)

शिकून नोकरी करपाचीं सपनां पळोवपी उमा लग्ना नंतर घोवाक बायलेन नोकरी करप मान्य ना म्हण ओगी रावता. ह्या उपेक्षीत वागणुके बद्दल आवाज काडपाक उमा उणी पडटा.

**तो येतलो देखून**

'तो येतलो देखून' ही कथा शिताबायच्या सुनेची काणी सांगता. 'नातवाचें' मुखामळ पळोवंक आशेल्ली शिताबाय 'नातीचें' तोंड पळोवन निराश जाता. सुनेक आनी नातींक उपेक्षीत लेखून तांच्या जिवाचें हाल करताना दिसता.

हे कथेंत शिताबाय सुनेच्या पदरांत परत परत चली भुरग्याचेंच सुख येता तें पळोवन सुनेच्या आनी नातींच्या जिणेंत चडांत चड प्रमाणान अडचणी तयार करता. तिसऱ्या नातीच्या वेळार ती तेराव्याच दिसाक सुनेच्या हातान घरचीं कामां दिता. नातीचो बारसो करूंक दिना. भुरगें रडटा तें पळोवन सुनेक उमाळें फुट्टात पूण शांतीबायन तिका कामां फुडें भुरग्यांक फाटीं दवरून वावरूंक लायता. तीन फावटी पदरांत चलयो आयल्यो म्हणून ना ना तरेचें अत्याचार शांतिबायन करता. शेवटाक ह्या छळांतल्यान मुक्त जावंक सून स्वताक लासून घेता.

अस्तुरेक समाजांत इतलें उपेक्षीत लेखतात, त्या सगळ्यां सोशणांतल्यान मुक्त जावपाक शेवटाक बायल आत्महत्या करप लेगीत स्विकारता.

**तिची काणी**

'तिची काणी' हे कथेंत सुखदाक एके अंधविश्वासाक लागून उपेक्षीत लेखिल्ले पळोवंक मेळटा. सुखदाच्या बारशा दिसा ताचो भाव बांयत पडून मरता. सुखदा जल्माक आयले आनी ताणें येताच आपल्या भावाक खालो अशीं दुशणां ताका ताच्या घरचीं आनी सरभोंवतणचो समाज दिवूंक लागता. फक्त कर्तव्य म्हण आजी ताका जगयता आनी बापूय शाळेक धाडटा. मोगा बगर ताची वाड जाता. सुखदाच्या जाग्यार ताचो भाव आशिल्लो जाल्यार भयणीक खायरो म्हण ताका कोण उपेक्षीत

दवरपाचो काय भुरगो तो, ताणें जाणून करू ना, अश्या मरणाचो ताच्या बालमनाचेर परिणाम जायत म्हण उरफाटे ताकाच जपता आशिल्ले काय असो प्रस्न येता.

सुखदाचें लग्न थारायतनाय 'भाव खायरो' हें दुशण ताची फाट सोडी ना.

*"तुका आनी तरणो कवकवीत भुरगो खंय मेळटलो? सगळेकडेन भाव खायरो म्हण नांव पाविल्ले आसा! हो एकटो काकूट म्हण लग्नाक तयार जाला तेन्ना मुकाट्यांनी माटवांत उबे राव."* (तिची काणी, ८७)

**भागरत**

ही पुराय कथा भागरतीचें जिणेचो सार वाचप्यांक सांगता. एके बायलमनशेक समाज दुय्यम स्थानार लेखता त्या वेळार तिची चूक नासूनय तिचे कशें हाल जातात ते लेखकान कथेंत मांडला. ल्हान पिरायेचेर लग्नाच्या नांवां खाला विकतें घेतिल्ले भागरतीचेर ताची मांय आनी समाज असंख्य तरेचें अत्याचार करतात.

भागरतीक घोवाचें सूख मेळनाशिल्ल्यान तिच्या पदरांत भुरगें नाशिल्ले. मांय 'वांजूड' म्हणून दिस रात ताका खेपताली. हांतूंत भागरतिची किते चूक? मुळांतच उपेक्षीत आशिल्ल्या कारणान तिचें उतर आयकप, तिच्यो भावना समजून घेवपाची कोणाकच गरज दिसना.

पयली मांय धाडटा म्हणून आनी उपरांत घरांतल्यान भायर सुटूंक मेळटा म्हणून, भागरत दिसवड्याच्या वावराक वचूंक लागता. ट्रकार तिची वळख नागू गावकारा लागीं जाता. गांवचे लोक इश्टागतीच्या तांच्या नात्याक वेगळेंच नांव दिवन भारगतिच्या चरित्राचेर प्रस्न उबें करतात. जें करूच नां ताचो बोल लायतकच चवताळून ती गांवा भायर सरता. इश्टागतींत नागू गांवकाराचेंय तितलेंच योगदान आशिल्ले पूण ताका कोणूच एका उतरान विचारना. *"नागू गांवकाराक कोणें दोश दिलोच ना. दिलो फक्त भागरतीक"* (अथांग पान नं ७९).

बायल दुसऱ्या दादल्या वांगडा उलयली म्हणून तिका बेघर करप, तिची बाजू जाणून घेवपाची गरज लेगीत दिसप ना, इतली उपेक्षीत वागणूक एके अस्तुरेक दिल्या.

**निश्कर्शः**

● जयंती नायक हांच्या चारूय कथा संग्रहांतल्यो कथा पळयल्यो जाल्यार तांचीं पाळां मुळां गांवा कडेन आशिल्ली पळोवंक मेळटात. लेखिका गांवगिऱ्या वाठारांतली आशिल्ल्यान तशेंच संवेदनशील आशिल्ल्यान तिच्या कथांनी गांवांतल्या विंगड विंगड उपेक्षीत वर्गाचें चित्रण सहजपणान आयला.

● अस्तुरेक फक्त ती अस्तुरी म्हण दिल्ली दुय्यम दर्ज्याची वागणूक तिच्या कथांनी चित्रायल्या.

● देखी दिल्ल्या कथांनी अस्तुरेक केन्ना रूपाक लागून, केन्ना आवयपण मेळूंक ना म्हण, केन्ना विधवा म्हण जाल्यार केन्ना फक्त ती अस्तुरी आनी तिणें दादल्या कडेन इश्टागत जोडल्या म्हण तिकाच दुय्यम स्थान दिल्लें पळोवंक मेळटा. अस्तुरी आसपाच्या अनेक रूपांनी अस्तुरेच्या वर्गांतूय तिका उपेक्षीत दवरिल्लें ह्या कथांनी मेळटा.

● खूबदां बायल बरोवपी अस्तुरेचेर अन्याय जाता तेन्ना फक्त दादल्याकच दोश दितात. जंयती नायक हेर समाजा बरोबर बायलांनीच बायलांक दिल्ल्या दुय्यम वागण्याचेरूय बोट दवरता.

● शिक्षण खुबशा बंद दारांची चावी आसली तरी शिक्षणा बरोबर धाडसूय गरजेचें हें 'शारदाम्मा' सारखे कथेंतल्यान आमकां समजता. कारण तितलेच शिक्षण आशिल्ली 'उमा' बंदिस्त जीण जगता.

● साहित्यीक आपल्या साहित्यांतल्यान समाजाक हारसोय दाखता आनी प्रेरणाय दिता. 'निमणें बंड', 'शारदाम्मा', 'भागरत' ह्यो कथा कांय प्रमाणांत बंडाक प्रोत्साहन दितात जाल्यार 'उमा', 'तो येतलो देखून' उपेक्षीत जिवितांचें दर्शन घडोवन काळजाक पीळ घालून बदलपा खातीर समाज सुधारच्या कामा खातीर विचार परिवर्तनाचें काम करतात.

**संदर्भः**


१. कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश, रचनाकार दामोदर के.का. घाणेकार, राजहंस वितरण, पणजी, २००९.

२. नायक, हेमा. 'कोंकणी साहित्यांत अस्तुरेची प्रतिमा', *अनन्य,* वर्स १, अंकः१, जुलै-डिसेंबर २०१४, सं.जयंती नायक, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय.

३. नायक, जयंती. *अथांग.* आमोणें, केपें गोंयः राजाई प्रकाशन, २००२.

४. नायक, जयंती. *गर्जन.* आमोणें, केपें गोंयः राजाई प्रकाशन, १९८९.

५. नायक, जयंती. *आर्त.* आमोणें, केपें गोंयः राजाई प्रकाशन, २०१९.

६. नायक, जयंती. *तिची काणी.* आमोणें, केपें गोंयः राजाई प्रकाशन, २०२०.

७. वर्धा हिंदी शब्दकोश, प्र. सं. राम प्रकाश सक्सेना, महात्मा गांधी आंतरराष्ट्रीय हिंदी विश्वविद्यालय, वर्धा, २०१३

८. सरदेसाय, माधवी. 'कोंकणी नवलकाणयांतलो बायलमनशेचो आवाज', *मंथन,* जाग प्रकाशन, मार्च २०१२, १०२-११०.

९. साहनी, एस.बी. साहनी हिंदी शब्दकोष, ५९

10. The Student's Sanskrita English Dictionary, Vaman Shivram Apte, Motilal Banarsidass Publishing House, New Delhi, 14th Reprint, 2021.


---


१. **डॉ. रमा मुरकुंडे,** कोंकणी अध्ययनशाखा, गोंय विद्यापीठ, गोंय- मोबायल क्र. ९८५०४६८२७८

२. **कु. प्रतिमा गांवकार,** सँट आलॅक्स उच्चमाध्यमीक शाळा, कुडतरी, गोंय. मोबायल क्र. ८४११०६५७१६


***